# गोंय मुक्ती चळवळीचो इतिहास पाठयपुस्तकात आसपाव करपाची गरज-राज्यपाल

ता. 18 जून 2018
28 जेष्ठ 1940.

गोंय मुक्ती चळवळीचो इतिहास पाठयपुस्तकांत आसपाव करपाची चड गरज आशिल्ल्याचे प्रतिपादन गोंयच्यो राज्यपाल डॉ.(श्रीमती)मृदुला सिन्हा हांणी आयज हांगा आझाद मैदानाचेर आयोजित राज्यपातळीवयल्या गोंय क्रांती दिस कार्यक्रमात उलयताना केले.

गोंय मुक्ती चळवळीचो इतिहास पाठयपुस्तकांत आसपाव केल्यार विद्यार्थ्यांक गोंय मुक्ती चळवळीत स्वातंत्र्य सैनिकांनी केल्ल्या त्यागाची आनी धाडसाची माहिती जावपाक मदत जातली. तशेच तांका परकीय राजवटीतल्यान गोंयाक मुक्त करपाखातीर जाल्ल्या राष्ट्रीय चळवळीचे म्हत्व कळटले, अशेंय राज्यपालानी सांगले.

राज्यपालान फुडे सांगले, मुक्ती उपरांत गोंयात वेगवेगळया मळांचेर प्रगती केल्ली आसली तरी प्रगतीत आनीक वाड करपाक भरपूर वाव आसा. गोंय नितळ, सोबीत आनी विकसित राज्य करपाखातीर लोकांनी सरकाराच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाचो उलो मारून राज्यपालान गोंय मुक्ती चळवळीखातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांखातीर ही खरी आदरांजली थारतली अशें सांगले. गोंयची सैमीक सोबीतकाय आनी खास करून पर्यटन मळार जाल्ल्या उदरगतीखातीर संवसार भरातल्यान लोक राज्याक भेट दितात, अशेंय राज्यपालन म्हणले.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्मे तशेंच म्हान क्रांतीकारी डॉ. राम मनोहर लोहिया हांच्या त्यागाचो उगडास करून तांच्या त्यागाक लागून गोंयाक 72 वर्सां पयली म्हळयार 19 डिसेंबर 1961 वर्सा स्वातंत्र्य मेळ्ळे.

सुशिक्षित आनी सुसंस्कृत समाजाची गरज उक्तावन मुख्यमंत्र्यान शिक्षित आनी संस्कारीत लोक लेगीत न्हयांनी प्लास्टिक आनी हेर कोयर उडयतात जाका लागून न्हंयानी प्रदूशण जाता, अशें म्हणले. गोंय प्लास्टिक मुक्त करपाखातीर सरकारावतीन प्रयत्न करपात येतात, पूण तेखातीर लोकांचे सहकार्य म्हत्वाचे आसा. आयच्या हया प्रसंगार आमी सगळयांनी गोंय सगळे बाबतीत सोबीत आनी सुंदर करपाचो सोपूत घेवया, अशेंय मुख्यमंत्र्यांनी म्हणले.

गोंय,दमण आनी दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. चंद्रकांत पेडणेकर हांणी मयेच्या मालमत्तेचो प्रस्न सोडोवपाविशी केल्ल्या मागणीचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान हो प्रस्न सोडोवपाखातीर प्रयत्न जातले, अशें सांगले.

गोंय स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. पांडुरंग कुंकळयेकर हांणी स्वातंत्र्य चळवळीच्यो कांय घडणूको कथन केल्यो.

सुरवेक राज्यपाल, मुख्यमंत्री आनी हेर मानेस्तांनी हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपली.  पुलीस पंगडान मानवंदना दिली.  बाल भवनाच्या भुरग्यांनी देशभक्ती गीतां सादर केली.

डॉ. दयानंद राव हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.  कार्यक्रमाक पणजी आनी सरभोवतणच्या शाळातली भुरगीं हजर आशिल्ली.

त्याउपरांत आग्वाद जाल्ल्या कार्यक्रमात गोंय,दमण आनी दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. चंद्रकांत पेडणेकर, स्वातंत्र्य सैनिक ज्योकिम पिंटो, गुरूदास कुंदे, अरविंद नेवगी आनी हेरांनी स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.